Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 25th October 2025

Rashmi 55-

गोंय सरकारान 2 ओक्टोबर 2020 वर्सा राज्यात स्वयंपुर्ण गोंय हो उपक्रम चालीक लायला. फाटल्या पाच वर्सात गोंय सरकारान ह्या उपक्रमावरवी केल्लया कामाचो नियाळ दिवपी स्वयपुर्ण गोंय ची पुस्तिका आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंच्य हस्तुकी लॉच जाली. स्वयपुर्ण मित्रांनी प्रसासकीय सेवा लोकांमदी पावोवन लोकांच्या जीणेत कसो बदल केला तांची म्हायती ह्या पुस्तिकेत आसा. BYTE -

Rashmi 79-

गोंयची सरकारी नोकर भरती प्रक्रिया पुरायपणान वेवस्थित करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान महत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. वेगवेगळ्या खात्यां खातीर जायत्यो चांचण्यो करचे परस आतां सगळ्यो नोकऱ्यो एकाच ऑनलायन परिक्षे वरवीं जातली. अर्जदाराक 15 वर्सांचो गोंय राबितो प्रमाणपत्र आसलो तरी कोंकणी परिक्षा क्लियर केल्या बगर तो नोकरे खातीर पात्र थारचो ना अशें मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार कळीत केला.मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत

हांणी पर्वरी मंत्रालयांत कर्मचारी निवड आयोगान आयोजीत केल्ल्या नॅशनल रोजगर मेला वरवी सुमार 50 उमेदवारांक नेमणूक पत्रां दिलीं. Byte

DIP 90

25 ऑक्टोबरक आयज सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच, सांजवेळी 4.30 ते 6.00 वरां मजगती मिरामार बीच, विज्ञान केंद्र सामकार आनी 26 ऑक्टोबरक सकाळी 6.30 ते 8.00 वरां मजगती बांबोळी बीच वाठारांत पेंवप प्रशिक्षण सत्र आयोजीत केलां तें खातीर न्हंय/दर्यावाठारांत येरादारी करपी सगळ्यों बोटी, उदकाखाल बोटी, पनाक, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवप प्रशिक्षणाक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सावकास येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतर राखून थांबचें. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केलां.

सुभाष 80

भारत सरकारान युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या १५० व्या जयंती दिसा निमतान ३१ ऑक्टोबर ते १५ नोव्हेंबर २०२५ मेरेन सरदार@150 - पदयात्रा -द युनिटी मार्च आयोजित करपाचे थारायला. ह्या

निमतान  निबंद सर्त ,  एक था सरदार पॉडकास्ट मालिका, ऑनलायन क्विझ आनी राष्ट्रीय रील सर्त घडोवन हाडटले. ह्या सर्तींनी गोंयकार विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशे राज्य खेळा संचालनालयान मागला.विद्यार्थ्यांनी तशेच एनएसएस स्वयंसेवकांनी  mybharat.gov.in पोर्टला वरवीं वांटो घेवचो अशें आवाहन राष्ट्रीय सेवा योजना महाराष्ट्र  आनी  गोवा विभागाचे संचालक अजय बा. शिंदे हांणी मागला.

Rashmi 90

फीडे चेस संवसरीक वस्तादपान सरत गोंयांत 31 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेबर ह्या काळात जाता. हे फांटभुयेर काल मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी वस्तादपान सरतिच्या  तयारेची वेगेवगळ्य खात्याच्या मुखेल्यांनी बसका घेंवन नियाळ घेतलो. चॅम्पियनशिपाचे उक्तावण सुवाळो श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेंर सांजेच्या 4 वराचेंर जातलो. जाल्यार सर्ती बार्देश ताल्क्यातल्या हडफडे गांवात रियो रिसोर्ट हांग जतल्यो. ह्या चॅम्पियनशिपात 83 देशांतले 206 प्रतिनिधी वाटो घेतले. भारताताले 24 बुध्दीपळ खेळगडी ह्य सर्तीत वाटो घेतले. जांका ही सर्त पळोवपाक जाय त्या बुद्दीबळ मोग्यांनी ऑनलायन माध्यमातल्यान ह्या सर्तींच्या वेबसायटीचेंर नाव नोंदण करची अशे मुखेलमंत्र्यान कळीत केला.

**वेदर 60**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 29 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी मध्यम ते व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता

**Sports 30**

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी ऑस्ट्रेलिये हांचे मदीं जावपी तीन मॅचींचे माळेची तिसरी आनी निमाणी एका दिसाची मॅच आयज सिडनी क्रिकेट मैदानाचेर जातली. सकाळीं 9 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.